**Panaji regional news 7.20PM 16  May 2025**

**कला अकादम**

कला अकादमीची पळोवणी करुन बांधकामात खंय खंय दुरुस्ती जाय, यं6णेत खंय आनी कित्याक  बिघाड जाला हांचो अहवाल सराकरान कला अकादमीविंशी नेमिल्लया खासा  कृती दळान सराकराक दिला. ह्या अहवालाप्रमाण  कला अदाकमीच्या  बांधकामात जंय जंय दुरस्ती जाय ते त्याच कंत्राटदाराकडल्यान परत पैशे दिवच्या शिवाय सरकार करुन घेतलो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. तशेचं  कृती दळाच्या सुचोवणेप्रमाण कला अकादमीत जे किते नवे काम करपाक जाय ताचेखातीर  नवे कंत्राट सरकार काडटले.जाल्यार कला अकादमीचे हलक्या दर्जाचे काम केला म्हण संबंधित  कंत्राटदाराक  कला अकादमीची आताचे नुतनीकरणाचे काम सोपल्या उपरांत  ब्लॅक  लिस्टान घालतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.कला अकादमीचो स्लॅब कोसळप, ध्वनी यंत्रणा, प्रकाश योजना ह्या तांत्रिक , तशेंच बांदकामाचो दर्जो घसरील्लयान हांगा  कला सादर करपी  कलाकारांनी तशेंच रसिकांनी कला अकादमीच्या बबात दर्जाच्या बांधकामा बाबतीन प्रस्न उप्रासित केल्लो. ते उपरातं सराकरान आता  कला अकादमीचे  नुतनीकरणाचे काम हातान घेवपाचे थारायला.

**अटल आसरा**

गोंय सरकारान दुबळ्या कुटुंबांक तांच्या घराच्या दुरुस्तीखातीर आदार मेळचो ह्या हेतान चालीक लायिल्ल्या अटल आसरा येवजणेंत प्रलंबीत आशिल्ल्या अर्जांचो निकाल लावचे खातीर खासा मोहीम चलणुकेंत हाडल्या.आयज त्या

निमतान मुरगांव आनी दिवचलच्या आमदारांच्या कार्यालयांत घडोवन हाडिल्ल्या शिबिरांत लोकांनी व्हड संख्येन वांटो घेतलो.सरकार आपल्यो येवजण्यो घेवन लोकांच्या दारांत येता तेन्ना तांकां लोकांनी पुराय सहकार्य दिवचें तशेंच त्या येवजण्यांचो लाव घेवचो अशें दिवचलचे आमदार दो चंद्रकांत शेटये हाणी हें वेळार उलयतना म्हळां.

**स्ट्रीट प्रोविड्नस**

आलाशिरो नाशिल्ले हेर राज्यातले लोक  गोंयच्या रस्त्याच्या कडेक  वा हेर सुवातीनी रावतात, अशा गरजु  नागरीकांची ओळख पटोवन तांका परत तांच्या राज्यात धाडपाखातीर वा तांका थंय आशिल्लया निवारो घरात दवरपाच्या नदरेतल्यान

सरकार यत्ज्ञ करतले अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिला अशी म्हायती गोंय स्ट्रीट प्रोविड्नस ह्या बिगर सरकारी संघटनेचे मुखेली डोनाल्ड फर्नांडीस  हांणी दिल्या . आयज  गोंय स्ट्रीट प्रोविडन्सच्या  वांगड्यांनी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांची पणजे तांच्या सासकीय बंगल्याचेंर  भेट घेवन गोंयात  सध्या आलाशिरो नाशिल्लया मनशांची परीस्थितीचो नियाळ दिलो.गोवा स्ट्रीट प्रोविड्न्स संघटनेती गोंयासयत सध्या महाराष्ट्रा,झारखंड आनी मणीपुर  शेल्टर होम्स आसात . हे शिवाय फुडारात कर्नाटका, आनी उत्तर भारतात संघटनेची शएल्टर होम सुरु करतले अशी म्हायती डोनाल्ड फर्नांडीस हांणी दिल्या. मुखेलमंत्र्याची भेट घेतल्या उपरांत पत्रकारांकडे उलयतना फर्नांडीस हांणी ही म्हायती  दिल्या.

**फोंडाचे आमदार**

शेतकी मंत्री  आणि फोंडाचे आमदार श्री रवी नायक हांणी आज कुर्टी खंडेपार पंचायत वाठरात पावसाच्या आदल्या मुखेल कामांचें उक्तावण केलें, तातूंत रस्त्याचेर हॉट मिक्सिंग आनी पावसाच्या हंगामा आदीं समाजाक आदार दिवपाचे हेर म्हत्वाचे कामाचो आस्पाव  आसा. ह्या वेळार फोंडा नगरपालिकेचे नगरसेवक रितेश नाईक, समाज वावूरपी आदर्श तोरसकर आनी हेर मानेस्त हाजिर आशिल्ले. नारळ फोडून ह्या कामांचें उक्तावण केलें. लोक कल्याणाचेर लक्ष केंद्रीत करून अशे तरेचे उपक्रम सुरू केल्यात अशें मंत्री रवी नाईक हानी या वेळार उलयतना सांगले. लोककल्याणकारी कामा सदाच घडवोन हडतलो अशे मंत्री रवी नाईक हानी या वेळार सांगले. ह्या वेळार रितेश नाईक आणि हेराची उलोवपा जाली.

**शंखनाद महोत्सवा’**

फाल्यां सावन  फोंडा हांगाच्या अभियांत्रिकी म्हाविद्यालयाच्या मैदानाचेर जावपी ‘सनातन राष्ट्र शंखनाद महोत्सवा’ विशीं जागृताय निर्माण करपा खातीर आयज भव्य वाहन परेड काडली. ही वाहन परेड फोंडाच्या सनातन आश्रमांतल्यान फार्मागुडी मेरेन  जाली, जाल्यार दुसरे वटेन ह्या उत्सवा खातीर देशभरांतल्यान येवपी शेंकड्यांनी वाहनां पत्रादेवी, काणकोण आदी शिमेवयल्यान गोंयांत प्रवेश केलो.   . भारतीय प्रशासकीय सेवा (आयएएस)चे आदले अधिकारी श्री. अरुण देसाय हाणें धर्मीक ध्वजाची पुजा केल्या उपरांत मिरवणूक सुरू जाली.  कवळे - तिस्क फोंडा, शांतिनगर जंक्शन, गोवा बागायतदार, फोंडा टपाल कार्यालय - फोंडा हांगा पोरनो बस स्टँड - श्री हनुमान देवूळ, कुर्टी - फार्मागुडी किल्लो भागात ही रॅली गेली. हाचे आदीं सुहासिनीनी वेगवेगळ्या सुवातेर धर्मीक ध्वज लावून आनी रस्त्यार रंगोली रंगोवन मिरवणुकेक येवकार दिलो. हे रॅलीत वेगवेगळ्या

संघटनांनी वांटो घेतिल्लो.वाहन परेडाचे सुरवेक सनातन संस्थेचे प्रवक्ते श्री. अभय वर्तक हानी, "जशें लाखांनी भक्त आषाढ़ी उत्सवा खातीर विठ्ठलाक भेट दिवपाक पंडरपूराक वतात, तेच प्रमाण सनातन धर्मा खातीर संवसारभर वावुरपी लोक महोत्सवात एकठाय जाल्यात. ही भोंवडी म्हळ्यार सनातन संस्कृतायेक हिंदू राष्ट्रा कडेन पुनरुज्जीवन करपाचे दिकेन फुडलें पावल! अशें अभय वर्तक हानी म्हळे.दोनचाकी, चारचाकी आनी बशींचेर केशराचे ध्वज उबारून, 'हर हर महादेव', 'शाश्वत धर्माक जैत', 'जयतु जयतु हिंदू राष्ट्र' अशे नारे दिलें!

तीन दिसांच्या शंखनाद आध्यात्मिक महोत्सवाक फाल्यां सावन फोंड्या फर्मागुडयेर सुरवात जातली. गोंयचें दैंवत चलिल्लें पर्यटन ' अध्यात्म पर्यटना ' वरवीं परतून देशांत पयल्या नंबराचेर हाडप हो महोत्सवाचो हेत आसा, अशें आयोजकांनी सांगला. १७ ते १९ मे मेरेन चलपी ह्या महोत्सवांत देश विदेशांतले प्रतिनिधी वांटेकार जातले. फर्मागुडी आभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या मैदानाचेर जावपी 'सनातन राष्ट्र शंखनाद महोत्सव' हो महोत्सव फक्त धर्मीक न्हय, तर आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार आध्यात्मीक जागृतायेचो महोत्सव थारतलो अशेंय आयोजकांनी सांगले. २३ देशांतले प्रतिश्ठीत मानेस्त, विवीध संप्रदायांचे संत-महंत, देवळांचे विश्वस्त आनी २५ हजारां परस चड भावीक हातूंत वांटेकार जातले अशी आस्त आसा.

**अधिकाऱ्यांची बदली**

गोंयात नेमणुक जाल्या आय.ए.एस आनी आय.पी.एस अधिकाऱ्यांची बदली जाल्या. बदलीच्या आदेशाप्रमाण आ.ए. एस अधिकारी रमेश वर्मा तशेंच सुनील अंचिपका हांची गोंयातल्यान दिल्ली बदली जाल्या. जाल्यार स्नेहा गीते , तशेंच अश्विन चंद्रु आनी यशस्वीनी बी .हांची गोंयांसावन अरुणाचल प्रदेश बदली जाल्या. हे शिवाय पुलिस म्हासंचालक ओम विर सिंग बिश्णोई हांची दिल्ली

बदली जाल्या. जाल्यार दिल्लीसांवन केशव राम चौरासिया हांची गोंयात बदली जाल्या.

हे शिवाय गोंयांत पयली कार्यरत आशिल्ले आय.ए.एस  अधिकारी संजीव गडाकर हांची जम्मु आनी काश्मिरासांवन गोंयांत परत बदली जाल्या. , तशेंच यतींद्र मरालकार हांची लदाख सांवन गोंयांत बदली जाल्या.

हे शिवाय  संतोश सुखदेव हांची लदाख सांवन गोंयांत बदली जाल्या., ते भायर शकील रेहमा राथर  हांची जम्मु आनी काश्मिरासांवन गोंयातं बदली जाल्या. जाल्यार अर्जुन मोहन हांची लक्षदिपासांवन गोंयांत बदली जाल्या.

**तियात्रिस्त**

मडगांव: नामनेचे तियात्रिस्त आनी दिग्दर्शक सॅम्युएल एडवर्ड कार्वाल्हो हांकां आयज दुखेस्त मरण आयलें. तांची पिराय ५८ वर्सां आसली. मूळ माजोर्डा हांगाच्या ह्या तियात्र कलाकाराच्या कुडीचेर निमणे संस्कार केन्ना जातले हें अ‌ाजून थारावंक ना अशी म्हायती गोवा तियात्र अकादमीन दिल्या. गोवा तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझ हांणी तांच्या मरणाकचेर दुख्ख उक्तायताना, तांचे मरण तियात्र माचयेखातीर एक व्हड धक्को जावन आसा अशी प्रतिक्रिया उक्तायली.

१ मार्च १९६७ ह्या दिसा माजोर्डा हांगा जल्मल्ल्या कार्वाल्हो हांणी मिनिन फर्नांडीस हांच्या ‘तुका कित्याक पडला’ ह्या तियात्रातल्यान माचयेर पावल घाल्लेंें. पॅट्रिक दोरादो, ए.एम. पाशेको, अँथनी सेन, सी. डिसिल्वा, जुझे रॉड, मिलाग्रिस द चांदर, पाश्कॉल रॉड्रिगीस, ज्युनियर नेल्सन आनी कॉमेडियन आगुस्तीन अशा नामनेच्या तियात्र दिग्दर्शकांच्या हाताखाला काम केलें. 1998 वर्सा कार्वाल्हो हांणी स्वताची निर्मिती सुरू करून ‘हें तुमकां सगल्यांक’ हो तियात्र माचयेर हाडलो. ते उपरांत ताणी १७  तियात्र  बरोवन माचयेर हाडल्या. त्या भायर 13 कोंकणी व्हिडिओ फिल्मा तयार केली. गोंयांवांगडाच पुणें, मुंबय,

आखाती देश, युके आनी पॅरिस हांगा ताच्या तियात्रांचें प्रदर्शन जालें. बाहरीन हांगा तियात्राक 125 वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान घडोवन हाडिल्ल्या सुवाळ्यांत तांचो भोवमान केल्लो.

**हवामान**

हवामान खात्यान आयजसावन फुडले तीन दीस राज्यांत वादळी वार्‍यासयत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.ते प्रमाण फुडल्या तीन दीसांखातीर पावसाचो यलो एलर्ट जालीं केला.१९ तें २१ मे मेरेन हलको पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.कार रातीं सत्तरी सयत हेर कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडलो.हवामान खात्यांत दिल्ल्या म्हायती प्रमाण आयज पणजेंत चडांत चड तापमान।35.0 अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान।27.04 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला.जाल्यार मुरगांवात चडांत चड तापमान।33.08 अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान।28.0 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला.फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड तापमान।35 अशं ते उण्यांत उणे।27 अंश सेल्सियस इतलें उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.२१ मे दिसा राज्यांत हवामान सुकें उरपाची शक्यताय आसा.